**Panaji regional news 25 may 2025,, 7.20pm**

**मन की बात**

संवसारभरांतल्या आतंकवादाआड झुजपाक ऑपरेशन सिंदूरांतल्यान नवो आत्मविस्वास आनी उमेद मेळ्ळ्या अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज सांगलें. आकाशवाणीचेर केल्ल्या मन की बात कार्यावळींत राष्ट्राक संबोधीत करतना श्री मोदी हांणी ऑपरेशन सिंदूर वेळार सशस्त्र दळांनी दाखयल्ल्या शौर्याची तोखणाय केली. ऑपरेशन सिंदूर हें फकत लश्करी मिशन न्हय, तर राष्ट्राच्या संकल्पाचें आनी धैराचें चित्र, अशें प्रधानमंत्रीन भर दिलो. हाका लागून पुराय देशांत देशभक्तीची भावना निर्माण जाल्या, अशें तांणी सांगलें. देशांतल्या जायत्या शारांनी, गांवांनी ,देशांतल्या सशस्त्र दळाक मान दिवपा खातीर हजारांनी लोक तिरंग हातांत घेवन तिरंगा यात्रा घडोवन भायर सरले.. ह्या काळांत जल्मल्ल्या भुरग्यांक बिहारांतल्या कटिहारांत, उत्तर प्रदेशांतल्या कुशीनगरांत आनी हेर जायत्या शारांनी 'सिंदूर' अशें नांव दिलां हाचीय ताणें दखल घेतली.

भारतीय सैनिकांनी, भारतांत तयार केल्ल्या शस्त्रां, उपकरणां आनी तंत्रगिन्यानान आतंकवादी तळ नश्ट केले अशें प्रधानमंत्रीन भर दिलो. हातूंत 'आत्मनिर्भर भारत' चो संकल्पय आस्पावता अशें तांणी सांगलें. हे मोहिमे उपरांत पुराय देशांत 'व्होकल फॉर लोकल' संबंदी एक नवी उर्जा दिसता अशें तांणी नदरेक हाडलें. देशांत तयार केल्ल्या उत्पादनांक प्राधान्य दिवचें अशें तांणी सगळ्यांनी उलो मारला. ही फकत अर्थीक आत्मनिर्भरतायेची गजाल न्हय, तर राष्ट्र निर्मितींत वांटो घेवपाची गजाल अशें तांणी मत मांडलें.

माओवादी वाठार गडचिरोलीच्या कटेझरी गांवांत  पयलेच खेपे बस पावल्या प्रधानमंत्री   मोदी हांणी   समाधान उक्तायलें. ह्या गांवाचेर माओवादी हिंसाचाराची परिणाम जाल्ल्यान गांवांत बशी पयली केन्नाच वचूंक ना अशें श्री मोदी हांणी सांगलें. छत्तीसगढच्या माओवादी वाठारांतल्या भुरग्यांक विज्ञानाची आवड आसा अशें  प्रधानमंत्री हांणी सांगलें. छत्तीसगढच्या दंतेवाडा जिल्ह्याचे धावे आनी बारावे परिक्षेचे निकाल उत्कृश्ट जाल्यात हाची खोस प्रधानमंत्र्यान उक्तायली. माओवाद  आशिल्ल्या दांतेवाडांत शिक्षणाचो ध्वज उंच उडटा असो अभिमान श्री मोदी हांणी उक्तायलो. हालीं आयोजीत केल्ल्या रायजिंग नॉर्थ ईस्ट समिटाचेर उलयतना प्रधानमंत्री हांणी ईशान्य हो असामान्य आसा अशें सांगलें. सिक्किमाची परंपरा, विणपाची कला आनी फॅशन हांचो सोबीत संगम अशें सांगून तांणी क्राफ्ट फायबर्सचो उल्लेख केलो.

## खाजन शेती

गोंयची खाजन शेती पुर्नजिवित करपाकातीर  केंद्र सरकारान मजत करची अशी मागणी मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी शेनवारा दिल्लीत जाल्या निती आयोगाच्यe बसकेत केला.  गोंयात 10 हजार हॅक्टर  जमिनीच  खाजन शेती जाता. मात खारे उदक ह्या शेतानी गेल्यान ती पेड्यार जाल्यात  आनी शेतकार निरशेतल्यात अशी म्हायती  ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान निती आयोगाच्या बसकेत दिल्या. शेतात आशिल्ले बंद, तशेंच मानस  आनी शेतातलो गाळ काडपाची गरज आसुन, ही शेती पुर्नजिवित जायत जाल्यार  गोंयचो दर्यादेग  घटमुट उरपाक मजत जातली. तशेचं  नुस्तेमारी आनी  पारंपारीक मीठ करपाच्या व्यवसायाक उर्बा मेळटले अशे  म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर  प्रमोद सावंत हांणी ह्यावेळार बसकेत दिल्या.हे शिवाय गोंयचो अर्थिक, समाजिक  आनी पर्यावरणाच्य बाबतीन गोंयांच्या उदरगतीची म्हायती मुखेलमंत्र्यान ह्या बसकेत दिल्या.2030 मेरेन 30 टक्के इलेक्टीक वेहिकलांचो उपेग करुन  गोंयांतल्यान 50 टक्के प्रदुशण कमी

करपाची मोख सरकारान दवरला. विकसित भारताखातीर विकसित राज्य ह्या संकल्पनेचेंर निती आयोगांची ही बसका जाल्ली.

**अत्याधुनीक उत्पादन**

आयटीआय फार्मगुडी हांगा अत्याधुनीक उत्पादन तंत्रज्ञान प्रयोगशाळेचें उक्तावण हलीच जालें., ह्या कार्यावळीन गोंयांतल्या आयटीआय प्रशिक्षीतांक कुशळटाय उदरगत मुखार व्हरपाक म्हत्वाचो मार्गदर्शक दिशा थारतली, नव्यान स्थापन जाल्ली ही लॅब सीएनसी प्रोग्रामिंग, सॉलिड एज डिझायन सॉफ्टवेअर, आनी 3D प्रिंटिंग हांचें अत्याधुनीक प्रशिक्षण दिवपाक सज्ज आसा, जाका लागून प्रशिक्षीतांक प्रगत उत्पादन साधनां आनी तंत्रगिन्यानाची संद मेळटा. उद्देगीक सॉफ्टवॅर आनी पद्दतींत तांची कुशळटाय वाडोवन, प्रशिक्षीतांची रोजगारक्षमता घटमूट करपा खातीर हीं प्रशिक्षणां तयार केल्यांत, जाका लागून तांची कुशळटाय आधुनीक उद्देगीक मागणी प्रमाणें जुळटा.उक्तावण सुवळ्यक श्री महेंद्र वाणी (सामान्य वेवस्थापक, सीमेंस लिमिटेड)  श्री एस. कंबली (उपसंचालक – प्रशिक्षण), श्री अक्षय शिरवायकर (सहाय्यक संचालक – प्रशिक्षण सरकारी आयटीआय फार्मागुडी), श्रीमती शीतल देसाय (सहाय्यक संचालक – प्रशिक्षण) आनी श्री सागर (सीमेन्स) आयजीएनआयटीई पंगडाचे प्रतिनिधी, श्री कमलेश कुमार, श्री सुधाकर, आनी श्री रजत, हाजिर आशील्ले.ही लॅब

आयजीएनआयटीई प्रकल्पाचो एक मुखेल घटक जावन आसा.सीमेंसान 2021 वर्सा सावन गोंयांत  हो भारत-जर्मन उपक्रम  चालीक लायिल्लो, जर्मन ड्युअल व्होकेशनल एज्युकेशन अँड ट्रेनिंग (डीव्हीईटी) पद्दत सुरू करपाचो ह्या फाटलो हेतू आसा.

**संवसारीक थायरॉयड दीस**

थायरॉयड विकारां विशीं जागृताय करपा खातीर, सुरवातीच्या निदानाक चालना दिवपा खातीर आनी थायरॉयड भलायकेचेर सक्रिय वेवस्थापन करपाक प्रोत्साहन

दिवपा खातीर आयज संवसारभर संवसारीक थायरॉयड दीस मनयतात. थायरॉयडा संबंदीत खंयच्याय प्रस्नाचो दुबाव आसल्यार व्यक्तींक वैजकी मदत घेवपाची याद करून दिवपी हो दीस जाता.

थायरॉयड विकाराचीं सामान्य लक्षणां म्हळ्यार वजन वाडप वा उणें जावप, मानांत सुज वा गांठ येवप, थंडी वा उश्णतायेक संवेदनशीलताय, मनोवृत्ती बदलप, चिंता, उदासीनताय, मासिक पाळी अनियमीत जावप, केंस पातळ जावप वा केंस पडप, सतत थकवप.आयोडीनयुक्त खाणां थायरॉयड हार्मोन तयार करपाखातीर गरजेचें आसता. नेमान तपासणी आनी, योग वा थायरॉयड भलायकेक आदार दिवपाक मदत करतात.

**मॉ ॅन्सून गोंयांत**

2009 उपरांत पयलेच खेपे नियोजित तारखेपयली गोंयांत मान्सून पावला. हवामान खात्याकडल्यान ही माहिती मेळ्ळी. हर्शी मॉन्सून 5 ते 9 जून मेरेन पावता. केरळांत तो बेगीन पाविल्ल्यान गोंयातूय तो बेगीन पावला.  चार-पांच दिसां सावन गोंयांत सेगीत पावस झडत आसा. ह्या पावसाक लागून जायते कडेन पडझडूय जाली. फुडले चार दिस हवामान खात्यान ऑरेंज एलर्ट जारी केला. हाका लागून पावसाचो नेट सेगीत उरतलो. . पावसाचें उदक रस्त्यावेल्यान व्हावपाक लागलां. रस्ते, बाजार उदका पोंदाक गेल्यात. . तशेंच आयच्यान फुडले पांच दीस वादळ, वाऱ्या सयत घोग्यांनी पावस पडपाची शक्यताय उक्तायल्या. १ मार्च ते २४ मे मेरेन राज्यांत १८.१३ इंच मान्सूनपूर्व पावसाची नोंद जाल्ल्याची म्हायती दिल्या. फाटल्या २४ वरांनी काणकोणा सगल्यांत चड २.१८ इंच पावसाची नोंद जाल्या. जाल्यार पणजी, पोरणें गोंय, म्हापश्यां एका इंचा परस चड पावसाची नोंद जाल्या.

**मनसूनपूर्व कामाक नेट**

फोंडया तालुक्यात अशिल्ल्या 19 पंचायती तसेच फोंडा नगरपालिका वाठारत मनसूनपूर्व कामाक नेट आयला. फोंडा नगरपालिकेच्या वठ्ठ 15 प्रभागानी खळी उस्पाओवपाची कामा पुराय जायत आयल्यात तसेच रस्त्यार अडखळ जावपी झाडा झुडपाच्या खंद्यो मारून रस्तो मोकळे केल्यात. हमरस्त्या लाग्सल्ल्या कुंडई, मडकई ,बोरी, कवळे ,शिरोडा, म्हादोळ, वेलिंग, प्रियोळ,भोंम, अडकोण पंचायतीच्या हमरस्त्या कुशिकच्या खळ्यानी पडीलली माती उसपोवन गटार उदक व्हावपा खातिर मेकळी केल्यात. फोंडा तालुक्यातल्या बेतोडा निरंकाल, केरी सारख्या अंतर्गत पंचायत वाठारात मनसूनपूर्व कामा नेटानं सुरू आसात . येतात त्या आठवड्यात ही कामा पुराय जातली असो अदमास तालुक्यातल्या विविध पंचायतीच्या सरपंच आणि पंच वांगड्यांनी उकतायला.

**राष्ट्रीय शिक्षण धोरण**

राष्ट्रीय शिक्षण धोरण २०२० प्रमाण माध्यमीक शिक्षकां खातीर ' तांक वाडोवपी प्रशिक्षण ' कार्यावळी खाला गोंय शिक्षण प्रशिक्षण आनी संशोधन संस्थेन माध्यमीक शाळांतल्या इंग्लीश भास शिक्षकां खातीर प्रशिक्षण कार्यावळ घडोवन हाडल्या. भोपाळच्या प्रादेशिक शिक्षण मंडळाच्या आदारान ही प्रशिक्षण कार्यशाळा आभासी पद्धतीन जातली. हांतूत दोन अभ्यासक्रम आसात. तांतूतलो पयलो - इंग्लीश भास शिकोवपाचें प्रमाणपत्र अभ्यासक्रम स म्हयन्यांचो आसून तो जुलय २०२५ ते डिसेंबर २०२५ मेरेन चलतलो. दूसरो - इंग्लीश शिक्षण डिप्लोमा अभ्यासक्रम एक वर्साचो आसून तो जुलय २०२५ ते जून २०२६ मेरेन चलतलो.ह्या प्रशिक्षणांत रूची आशिल्ल्या शिक्षकांनी गोवा राज्य शिक्षण प्रशिक्षण आनी संशोधन मंडळ, पर्वरी कडेन बेगोबेग संपर्क सादचो अशें मंडळाचे संचालक मेघना शेटगांवकार हांणी मांगला.